8 June 2025 सकाळी -7.25

आकाशवाणी पणजी

पेम्मासानी -

केंद्रीय ग्रामीण विकास आणि दळणवळण राज्यमंत्री, डॉ. चंद्रशेखर पेम्मासानी हाणी काल गोंयचे येरादारी आनी पंचायती मंत्री मौवीन गोदीन्हो हांच्या बरोबर, गोयांतल्या वेग वेगळ्या विकास स्थळांक भेट दिली. तांणी शाश्वत पायाभूत सुविधा आणि नागरिक-केंद्रित सेवांबद्दल, राज्याच्या एकात्मिक दृष्टिकोनाची तोखणाय केली. तशेंच देशांतल्या अत्याधुनीक ‘ऑल इन वन’ सांडपाणी आनी कोयर प्रक्रिया प्रकल्पाची, डॉ.चंद्रशेखर हाणी पळोवणी केली. डॉ. चंद्रसेखर, हांणी वीज, वायू, निवळ उदक आनी रिसायकल केल्लीं सामग्री तयार करपाखातीर सुको, ओलो, आनी सैनिटरी कोयर वेवस्थापन करपाच्या मळार, केल्ल्या नवनिर्माणा खातीर हे सुविधेची तोखणाय केली. आंध्र प्रदेशात अशा तरेचे मॉडेल आपणावपाक तांणी रुची दाखयली.

डॉ. चंद्रसेखर हाणी उपजिल्हो हॉस्पिटल, जॉगर्स पार्क, आनी वाडेम तळ्याक लेगीत भेट दिली. थंय तांणी निवळ, आधुनीक भलायकी सुविधा आनी नागरिकांक मेळपी पाचव्या भौशीक सुवातांची तोखणाय केली. तशेच तांणी आप मजत गटाकडेन बायला सशक्तीकरणाविशी भसाभस केली. देशाच्या उदरगतीत बायलांचो वाटो म्हत्वाचो आसा, अशे ताणी ह्यावेळार म्हळे.

भलायकी मंत्री विस्वजीत -

गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाचे मुखेल वैजकी अधिकाऱ्याक, गैरवर्तवणुक केल्ले खातीर भलायकी मंत्री विस्वजीत राणे हांणी काल निलंबित केलो. दोतोरान दुयेतींक उपचार दितना मनीसपणान वागोंवक जाय, तांचेकडेन गर्वान उलोवपाक

जायना, अशे ह्यावेळरा  मंत्री विस्वजीत राणे हांणी संबंधित दोतोराक सांगले. काल भलायीक मंत्री विश्वजीत राणे हांणी, गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयाच्या हॉस्पिटलांत अचकीत भेट दिवन, हॉस्पिटलाच्या कामकाजाची पळोवणी केली. त्यावेळार संबंधित दोतोराक तांच्या गैर-वागणुकेक लागुन, मंत्री राणे  2 वर्साखातीर हांणी निलंबित केले. गोमेकॉ उपरांत, वास्को चिखलेच्या मुळाव्या भलायकी केंद्राक मंत्री विश्वजीत राणे हांणी भेट दिली. थंय किडणी उपचाराच्या विभागात डायलेसिस  दुयेंतीखातीर 10 नव्यो खाटी घालपाचो निर्णय मंत्री राणे हांणी घेतलो. तशेचं चिखले भलायकी केंद्रात दुयेतींचे प्राण वाडत आशिल्यान केज्युलटी वोर्डात आनीक दोतोर नेमपाचो निर्णय ह्यावेळार तांणी घेतला.

कोंकणी अकादेमी -

गोवा कोंकणी अकादेमीन २०२५ ते २०२८ ह्या तीन वर्सांच्या काळाखाती,र आपलें नवें सर्वसाधारण मंडळ घडोवपाची प्रक्रिया सुरू केल्या. अकादेमीच्या घटने प्रमाण कोंकणी भास, कोंकणी साहित्य आनी संस्कृतीक मळार कार्य करपी ६ संस्थांक, अकादेमीच्या मंडळाचेर प्रतिनिधीत्व दिवपाची तजवीज आसा. हे विशीं कोंकणी खातीर कार्य करपी, कायदेशीर रितीन नोंद जाल्ल्या आनी अकादेमीच्या सर्वसाधारण मंडळाच्या प्रतिनिधीत्वा खातीर इत्सूक आशिल्ल्या, गोंयांतल्या संस्थांनी आपल्या फाटल्या पांच वर्सांच्या कामाच्या अहवाला सयत ११ जून २०२५  मेरेन, आपले अर्ज अकादेमीक धाडून दिवचे, अशें कळीत केलां. हे विशीं अदिक म्हायती खातीर इत्सुकांनी, अकादेमीच्यो अधिकारी मारिया वाझ हिका संपर्क करचो, असो उलो अकादेमीच्या सचिवान मारला.

संकल्प से सिद्धि -

मोदी सरकाराक 11 वरसा जाल्या निमतान, गोंय माहिती आनी प्रसिद्धी खात्या वतीन 'संकल्प से सिद्धि' ही कार्यावळ फाल्या णव जुनाक, सकाळच्या साडे धा वरांचेर राजीव गांधी कला मंदिर फोडया आयोजित केल्या. मुखेल सोयरे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत आसतले तर मानाचे सोयरे म्हन, केंद्रीय ऊर्जा आनी नवीन आनी नवीकरणीय ऊर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नाईक उपस्थित रावतले.

French Open –

फ्रेंच ओपन टेनिस २०२५ च्या, बायलांच्या एकोड्या सर्तींत, अमेरिकन टेनिस स्टार कोको गॉफ हिणें काल रातीं जाल्ल्या रोमांचक फायनलींत, संवसारीक क्रमांक एकवेली बेलारूसी आरीना साबालेंकाक ६-७(५), ६-२, ६-४ अशा सेटानी हरोवन, पयलो रोलंड गॅरोस आनी दुसरो ग्रँड स्लॅम खिताब जिखलो. ह्या जैताक लागून, 21 वर्सां पिरायेची कोको गॉफ ही, 2015 वर्सा सेरेना विल्यमसा उपरांत, पॅरिसांत एकोड्या सर्तींत जैतिवंत जाल्ली पयली अमेरिकन बायल थारल्या.

हवामान - 100

हवामान खात्यान आयज सावन फुडले ३ दीस राज्यांत मध्यम ते काय प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय उक्तायल्या. पणजेंत चडांत चड तापमान ३३ अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान २६ अंश सेल्सियस इतलें नोंद जाला. ११ तारखेमेरेन नुस्तेमारांनी दर्यात वचचे न्हय, अशी शीटकावणी हवामान खात्यान दिल्या.

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबरा विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र, तुमका आयकूंक मेळटलें, आयज सांजे 7 वरा जावन वीस मिनटांचेर. नमस्कार!